30.08.2025 8.40am

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी टोकियोंत जाल्ल्या पंदराव्या भारत-जपान वर्सुकी शिखर सभेंत जपानी समकक्ष शिगेरू इशिबा वांगडा वांटो घेतलो
- फाल्यां चीनांतल्या तियानजिन शारांत शांघाय सहकार संघटनेची 25व्या शिखर सभेची सुरवात जातली.
- केंद्रीय गृहमंत्री अमित शहा गणेशोत्सव उत्सवात सहभागी जावपाक दोन दिसांच्या मुंबई दौऱ्यार काल सांजे पावले
- फुटबॉलात, भारतान काल नेपाळाचेर ५-० असो विजय मेळोवन २०२५ च्या SAFF अंडर-१७ बायला अजिंक्यपद स्पर्धेचे विजेतेपद पटकायले

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी टोकियोंत जाल्ल्या पंदराव्या भारत-जपान वर्सुकी शिखर सभेंत जपानी समकक्ष शिगेरू इशिबा वांगडा वांटो घेतलो. शिखर सभे वेळार दोनूय फुडाऱ्यांनी द्विपक्षीय संबंदांच्या पुराय व्याप्तीचो नियाळ घेतलो आनी खाशेली रणनिती आनी जागतीक भागीदारी फुडल्या पांवड्यार व्हरपाचे मार्गांचेर चर्चा केली.

संयुक्त पत्रकार परिशदेंत उलयतना प्रधानमंत्री मोदी हांणी तांची चर्चा उत्पादक आनी उद्देशपूर्ण आसा अशें सांगलें. संवसारीक शांतताय आनी स्थिरताये खातीर भारत-जपान भागीदारी गरजेची आसा अशें तांणी मान्य केलें.

भारत नवनिर्माणा वरवीं पुराय संवसारांत बदल घडोवन हाडटा अशें जपानचे प्रधानमंत्री शिगेरू निशिबा हानी आपल्या निवेदनांत म्हणलां. पूरक आनी परस्पर संबंद आसप भारत आनी जपान ह्या दोगांय खातीर फायदेशीर आसा अशें तांणी सांगलें.

हाचे आदीं मोदी हांणी सभापती फुकुशिरो नुकागा आनी जपानांतल्या संसद सदस्यांच्या पंगडाची भेट घेतली सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत मोदी हांणी सांगलें, भारत आनी जपान हांचे मदल्या घटमूट आनी इश्टागतीन संबंदांचेर चर्चा केल्या.

तशेंच चंद्र ध्रुवीय संशोधन (लुपेक्स) कार्यावळी खाला चंद्रयान-5 मोहिमे खातीर भारतीय अंतरिक्ष संशोधन संघटना (इसरो) आनी जपान एरोस्पेस एक्सप्लोरेशन एजन्सी (जा□क्सा) हांचे मदीं जाल्ल्या कबलातीकुय मोदी हांणी येवकार दिलो.

ह्या वेळार उलयतना जपानचे प्रधानमंत्री शिगेरू निशिबा हांणी भारताच्या परिवर्तनकारी जागतीक परिणामाची तोखणाय केली आनी जपानाचे अर्थवेवस्थेंत कुशळ भारतीय प्रतिभेचें चडांत चड आस्पाव करपाचो उलो मारलो.

उपरांत प्रधानमंत्री मोदी हांच्या जपान भेटी विशीं प्रसार माध्यमांक म्हायती दितना परराश्ट्र सचीव विक्रम मिश्री हांणी सांगलें, कि कायद्याच्या राज्याचेर आदारीत मुक्त, उक्ते, शांत आनी अर्थीक नदरेन गतिमान भारत-पा□सिफीक वाठारा खातीर सामायिक दृष्टिकोनाक बळगें दिवपी सुरक्षा सहकार्या विशीं संयुक्त घोशणापत्र आपणावपाक दोनूय देशांनी मान्यताय दिल्या.

फाल्यां चीनांतल्या तियानजिन शारांत शांघाय सहकार संघटनेची 25व्या शिखर सभेची सुरवात जातली. दोन दिसांच्या शिखर सभेंत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाजीर रावून संवसारीक फुडाऱ्यां कडेन उच्च पांवड्यावेल्या चर्चा खातीर वाटो घेतले. 2025 वर्साचे  शिखर सभेंत जागतीक प्रशासनात नव्या नेमांक तयार करण्यात महत्त्वाची भूमिका आसतली आनी प्रादेशिक सुरक्षा, जोडणी, टिकावू उदरगत आनी वांगडी राज्यां मदीं एकचार वाडोवप अशा मुखेल प्रस्नांचेर लक्ष केंद्रीत करतले.

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शहा गणेशोत्सव उत्सवात सहभागी जावपाक दोन दिसांच्या मुंबई दौऱ्यार काल सांजे पावले.शाह आज मुंबईतल्या फामाद  गणेश मंडळांपैकी एक आशिल्या लालबागचा राजाक भेट दितले. ते मुंबईतल्या वांद्रे आणि अंधेरी वाठारातल्या काय हेर गणेश मंडळांकुय भेट दितले. या भेटी वेळार शाह महाराष्ट्राचे मुख्यमंत्री देवेंद्र फडणवीस यांची भेट घेऊन सध्याची राजकीय परिस्थिती, सुरू आशिल्ले मराठा आंदोलन आणि आगामी महाराष्ट्र थळाव्या स्वराज्य संस्थांच्या वेचणुके खातीर भाजपच्या तयारीचेर चर्चा करतले अशी अपेक्षा आसा.

भारतीय दूरसंचार नियामक प्राधिकरण (TRAI)न आज इमारतीतल्या नेटवर्कची गुणवत्ता सुधारपाक आठ डिजिटल कनेक्टिव्हिटी रेटिंग एजन्सीज (DCRA) क मान्यता दिल्या. मंत्रालयान म्हणला की या एजन्सीज आता मालमत्तांमदी डिजिटल कनेक्टिव्हिटीचे मूल्यांकन आणि रेटिंग करपाक अधिकृत आसात. ट्रायन माहिती दिल्या की नोंदणी नियम आनी अधिकृत नियमाली प्रमाण कनेक्टिव्हिटीचे मूल्यांकन करत ले आणि कामगिरीच्या आधारान इमारतींक स्टार रेटिंग दितले

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहा हानी गुवाहाटीच्या श्रीमंत शंकरदेव कलाक्षेत्र आंतरराष्ट्रीय सभाघरांत आसामाच्या पयल्या बिगर काँग्रेसीच्या मुख्यमंत्री गोलप बोरबोराच्या वर्सभर चलपी जल्म शताब्दी समारंभाचे उक्तावण केले. गोलप बोरबोरा हे थोड्याच काळा खातीर मुख्यमंत्री आसले तरी ताच्या काळांत राज्यांत जायत्यो म्हत्वाच्यो संस्था स्थापन जाल्ल्यान आसामाच्या समाजीक-आर्थीक उदरगतींत गोलप बोरबोराचो व्हड वांटो आसा अशें शाहा हानी सांगलें. शाहा हानी गोलाप बोरबोराच्या जिविताचेर आदारिल्ल्या पुस्तकाचेंय अनावरण ह्या निमतान केलें.

माजी सैनिक योगदान भलायकी येवजण ECHS सुविधेचो विस्तार करपाक सरकारान मान्यताय दिल्या. लश्करी प्रशिक्षणाक अयोग्य जाहीर केल्ल्या वा हेर तरेन वैजकी नदरेन प्रशिक्षणाक अयोग्य आशिल्ल्या अधिकारी कॅडेटांक हे येवजणेंत सुविधा दितात. सशस्त्र दळांच्या स्वाभिमान आनी कल्याणा खातीर आपल्या वचनबद्धतेची पुष्टी करपा खातीर मंत्रालयान हें पावल उबारलां.

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी राष्ट्रीय खेळां दिसा निमतान अमृत उद्यान हांगा खेळगड्यां कडेन संवाद सादलो. खेळां दीस मनोवपा खातीर खेळगडे आनी खेळगड्यांक अमृत उद्यानाक खाशेलो प्रवेश दिलो . फुडल्या म्हयन्याचे 14 तारखे मेरेन पार्क उकते उरतले अमृत उद्यानांत प्रवेश फुकट आसून शाळेच्या पंगडांक राष्ट्रपती भवन संग्रहालयांत फुकट प्रवेश मेळटा. तशेंच पर्यटकांक ऑनलायन तिकीट बुक करूं येता.

मजगती राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाणी काल  नवी दिल्लीत भौशीक क्षेत्रातल्या उपक्रमांक २०२२-२३ चो स्कोप एमिनन्स पुरस्कार प्रदान केलो. या मेळाव्यात उलयताना  राष्ट्रपती मुर्मू हाणी म्हणले की, स्वातंत्र्यापासून भौशीक क्षेत्रातले उपक्रम आर्थिक विकास आणि सामाजिक समावेशनाचे एक शक्तिशाली साधन जाला.

नवी दिल्ली स्थानका वेल्या होल्डिंग एरियाचे काम जलदगतीन पूराय करपाचे रेल्वे मंत्री वैष्णव हाणी आवाहन केला.  सणांच्या काळात गर्दीचे व्यवस्थापन बरे जावचे हे खातीर हे निर्देश रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव यांनी अधिकाऱ्यांक दिले . वैष्णव यांनी  नवी दिल्ली स्थानकाक भेट दिली आणि स्टेशन परिसरात बांधपी  होल्डिंग एरियाचा आढावा घेतलो. सणांच्या काळात प्रवाशांचे सुरळीत व्यवस्थापन जावचे हेखातीर नवी दिल्ली रेल्वे स्थानकाच्या अजमेरी गेटकडे कायमस्वरूपी होल्डिंग एरिया बांदतात. नवी दिल्लीत पत्रकारांकडे उलयताना  वैष्णव हानी म्हणले की, नवी दिल्ली रेल्वे स्थानकार कायमस्वरूपी होल्डिंग एरियाचे बांधकाम वेगान सुरू आसा.

केंद्रीय खेळा व्यवहार आणि खेळा मंत्री मनसुख मांडविया यांनी राष्ट्रीय खेळा दिसानिमित्त भारताक पयलो मोंडो ट्रॅक मेळल्याचे सांगले. मांडविया यांनी नमूद केले की, भारत हो मोंडो ट्रॅक आशिल्लो २५ वो देश जाला कारण हाचे आदी जगातले फक्त २४ देशांमदी हो ट्रॅक आशिल्लो.

फुटबॉलात, भारतान काल थिंपू हांगच्या चांगलि मिथांग स्टेडियमर नेपाळाचेर ५-० असो विजय मेळोवन २०२५ च्या SAFF अंडर-१७ बायला अजिंक्यपद स्पर्धेचे विजेतेपद पटकायले. या दमदार विजयासयत यंग टायग्रेसेसान पाच सामन्यांत १५ गुण घेतले आणि गुणतालिकेत अव्वल स्थान मेळ्यले.

बॅडमिंटनात, सात्विकसाईराज रंकीरेड्डी आणि चिराग शेट्टी या स्टार दादल्या दोट्टी जोडीन पॅरिसातल्या जागतिक अजिंक्यपद स्पर्धेच्या उपांत्य फेर येत धडक मारल्या आणि स्पर्धेत भारताक पदक निश्चित केले  जागतिक क्रमवारीत नवव्या स्थानार आशिल्या या जोडीन उपांत्य फेरयेत दुसऱ्या मानांकित मलेशियाच्या आरोन चिया आणि सोह वूई यिक हांचो २१-१२, २१-१९ असो पराभव केलो. हाचआदी, सात्विक आणि चिराग यांनी टोकियोत जाल्या २०२२ च्या जागतिक अजिंक्यपद स्पर्धेत कांस्यपदक जिंकिल्ले त्यांच्या पदकाक लागुन २०११ पासून प्रत्येक जागतिक अजिंक्यपद स्पर्धेत भारताची पदक जिंकपाची मालिका अबाधित उरली. भारतीय जोडी आता आज सेमिफायनलीत जागतिक क्रमवारीत ११ व्या क्रमांकार आशिल्या ली यिउ आणि चीनच्या बो यांग चेन हांचेआड झुजतली. मजगती पीव्ही सिंधूचो सववो जागतिक अजिंक्यपद पदक घेवपाचो यान अयशस्वी झाला कारण तिका काल इंडोनेशियाच्या पुत्री कुसुमा वारदानीकडच्यान १४-२१, २१-१३, १६-२१ असो पराभव पत्करचो पडलो.

दर्यादेग कर्नाटक, हिमाचल प्रदेश, पंजाब आनी उत्तराखंडात आयज काय सुवातानी पावस पडटलो असो अदमास भारतीय हवामान खात्यान उक्तायला. ईशान्य, बिहार, राजस्थान, गुजरात, दिल्ली, मध्य प्रदेश, महाराष्ट्र आनी दक्षिण भारतात  काय सुवातानी पावस पडपाचो अदमास दीला.

फुडल्या पांच दिसांत वायव्य भारतात काय सुवातानी पावस पडपाची शक्यताय आसा, जाल्यार फाल्यां ते 2 सप्टेंबर मेरेन हिमाचल प्रदेशांतल्या काय सुवातानी पावस पडपाची शक्यताय आसा अशें हवामान खात्यान सांगलां.